**<u>तंबाकू, पानमसाला खावन भौशीक जाग्यांचेर थुंकतल्यांचेर कारवाय</u>**

ता. 10 जुलय 2020

उत्तर गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्यान उत्तर गोंय तालुक्यातले मामलेदार, जोड मामलेदार आनी संबंदीत पुलीस यंत्रणांक तंबाकू प्रतिबंद कायद्याची कडकपणान अंमलबाजावणी करपाचो आदेश दिला. तंबाकू आनी तंबाकूची उत्पादनां, पानमसाला, सुपारी ह्या सारखी उत्पादनां चाबडून खावपाच्या संवयीतल्यान तोंडात लाळ तयार जाता आनी ती थुंकून भायर उडोवपाची खर इत्सा तयार जाता. अशी लाळ भौशीक जाग्यांचेर थुंकप आयच्या कोवीड-19 संसर्गाच्या काळात चड धोक्याचे आसा. अशा लाळेतल्यान कोरोनाचो संसर्ग पातळपाची भिरांत आसून लोकांनी तंबाकू आनी तंबाकूचे जिन्नस खावन भौशीक जाग्यांचेर थुंकचे न्हय, असो उलो केंद्र सरकाराच्या भलायकी संशोधन विभागाच्या भारतीय वैजकीय संशोधन मंडळान मारला.

उत्तर गोंयच्या सगळ्या तालुक्यातल्या अंमलबजावणी पंगडानी तंबाकू आनी तंबाकूच्या उत्पादनांचो वेपार, वितरण आनी विक्री करतल्यांचेर तशेंच तंबाकू, पानमसाला खावन भौशीक जाग्यांचेर थुंकतल्याचेर दंडात्मक कारवाय करची असो आदेश दिला.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/376

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA